**गोंय अभियांत्रिकी महाविद्‌यालयांत अर्दवेळ एमई अभ्यासक्रम**

ता. 7 ऑक्टोबर 2021

फर्मागुडी फोंडेच्या गोंय अभियांत्रिकी महाविद्‌यालयांत तीन वर्सांचो अर्दवेळ मास्टर ऑफ इंजिनियरिंग (उद्‌देगीक अभियांत्रिकी) अभ्यासक्रम सुरू करपात येतलो. ह्या अभ्यासक्रमाक अखिल भारत तांत्रिकी शिक्षण मंडळाची मान्यताय आसून अभ्यासक्रम गोंय विद्‌यापिठाक सलग्न आसा.

हो एमई कार्यक्रम खास करून गोंय राज्यांत काम करपी अभियांत्रिकी वेवसायिकांखातीर आसा. अभ्यासक्रम वर्ग सांजेच्या वेळार घेवपाक येतले, जेणे करून विद्‌यार्थ्यी कामाच्या वेळेउपरांत वर्गांक हजर रावपाक शकतले. प्रवेश पात्रतेखातीर अर्जदाराकडेन दोन वर्सांचो कामाचो अणभव आसपाक जाय आनी खंयच्याय अभियांत्रिकेचो पदवीधर आसपाक जाय. हो अभ्यासक्रम पुर्ण केल्ले उमेदवार नामनेच्या खाजगी कंपन्यांनी तशेंच सरकारी खात्यांनी आनी संस्थांनी नोकरी करतात.

केंद्रीय अनुदान प्राप्त आयआयडीसी, आयआयटी, एनआयटी ह्या सारख्यो संस्थां, केंद्रीय आनी राज्य विद्‌यापिठांतल्या पीएचडी प्रवेशाखातीर पदव्युत्तर पदवी आवश्यक आसा. इत्सुक अर्जदारांनी प्रत्यक्ष प्रवेश फेरीखातीर 20 ऑक्टोबर 2021 दिसा सगळ्यां आवश्यक दाखल्यांसयत हजर रावचे. अर्ज आनी म्हायती पुस्तीका http://me.gec.ac.in ह्या व्हेबसायटीचेर उपलब्ध आसा. चड म्हायती खातीर प्रो. डॉ. सुरज राणे (मो. नं. 9890202390) हांचे कडेन संपर्क करचो वा ssr@gec.ac.in चेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/833

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji